# जेन नेक्स्ट डेमोक्रसी नेटवर्क कार्यक्रमाच्या प्रतिनीधी मंडळाक मुख्यमंत्र्या कडल्यान येवकार

ता. १२ सप्टेंबर २०२२

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी  आयज गोंयच्या भेटेर आयिल्ल्या जेन नेक्स्ट डेमोक्रसी नेटवर्क कार्यक्रमाच्या 5 व्या प्रतिनीधी मंडळाक येवकार दिवन प्रतिनीधीवांगडा संवाद साधलो. प्रतिनीधी मंडळात ऑस्ट्रेलिया, कॉस्ता रिका, ग्रीस, दक्षीण कोरिया, रोमानिया आनी ऑस्ट्रिया ह्या स लोकशाय देशांतल्या 18 प्रतिनीधींचो आस्पाव आसा.

जेन नेक्स्ट डेमोक्रसी नेटवर्क कार्यक्रमाविशीं म्हायती दितना मुख्यमंत्र्यान देशाचो वारसो, संस्कृती आनी भारतीय लोकशाय कारभाराची हेर लोकशाय देशांच्या प्रतिनीधींक वळख करून दिवप, लोकशाय जागतिक दृष्टिकोनातल्यान संवसारीक समस्यांचे निराकरण करपाखातीर भारताच्या योगदानाचे प्रदर्शन करप, भारतीय लोकशाय काराभाराची संकल्पना आनी यशस्वी प्रवासाची देख संवसारामूखार दवरप हो ह्या जेन नेक्स्ट डेमोक्रसी नेटवर्क कार्यक्रमाचो उद्देश आशिल्ल्याचे सांगलें.

जेन नेक्स्ट डेमोक्रसी नेटवर्क कार्यक्रमाखाला वट्ट 75 लोकशाय देशांतल्या प्रतिनिधींक निमंत्रीत करपाचो प्रस्ताव आसा. ह्या वर्सा भारत स्वातंत्र्याच्या 75 व्या वर्सा निमतान हो  उपक्रम आयोजीत केला. आझादी का अमृत महोत्सवाचो  एक भाग म्हूण आयोजीत ह्या कार्यक्रमाक  आतामेरेन जगभरांतल्या तरणाट्यांच्या  चार पंगडांचे आयोजन केला.

ह्या कार्यक्रमातल्या  भारत आनी हेर लोकशाय देशांमदले संबंध मजबूत जावपाक नक्कीच मदत जातली. विविधतायेसयत भारत ही संवसारांतली सगळ्यांत व्हड  लोकशाय आसा आनी जेन नेक्स्ट डेमोक्रसी नेटवर्क कार्यक्रमात भारताची म्हत्वाची भुमीका आसा.

ह्या उपक्रमाखाला लोकशाय देशांतले युवा फुडारी भारतातल्या विंगड विंगड राज्यांक भेट दिवन संवाद आनी सादरीकरणा वरवीं भारताचो गौरवशाली इतिहास, शिक्षणीक संस्था, वैज्ञानिक प्रगती तशें सांस्कृतिक परंपरांची म्हायती जाणून घेतले.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यान प्रतिनीधी मंडळाक गोंयचे सैमीक सौंदर्य, इतिहास आनी सांस्कृतीक वारशाची म्हायती दितना गोंयाक भारताची पर्यटन राजधानी करपाचो आमचो प्रयत्न आशिल्ल्याचे सांगून  प्रतिनिधींक राज्यांच्या विंगड विंगड वांठारांत, दर्यावेळो,  स्मारकां, शारां आनी हेर स्थळांक भेट दिवापाक सांगलें. गोंयची

**सोबीतकाय  पळयल्या उपरांत तुमी  निश्चितपणान गोंय हे भारतातले एक उत्कृश्ट पर्यटन स्थळ आशिल्ल्याचे तुमच्या देशांनी  प्रचार करतले, अशी आस्त तांणी उक्तायली**.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/525

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji